**वंदे मातरम् राष्ट्रीय गीताचे 150 वे वर्स मनोवपाच्या कार्यावळीचो विशेंश टप्पो**

ता. 20 मार्च 2026

वंदे मातरम् राष्ट्रीय गीताचे 150 वे वर्स मनोवपाच्या कार्यावळीचो विशेंश टप्पो (तिसरो टप्पो) 23 ते 30 मार्च 2026 मेरेन आसा आनी ह्या टप्प्यात काळांत आयोजीत करपात येवपी कार्यक्रमांचो "शहीद दिवस" हो केंद्रबिंदू आसतलो. ह्या टप्प्याच्या काळांत आयोजीत करपात येवपी कार्यक्रमांनी खास करून वंदे मातरम् गीताचो इतिहास आनी दायजाकडेन संबंदीत भारतीय स्वातंत्र्य चळवळींतले म्हान स्वातंत्र्य सैनिकांचेर भर आसतलो.

तशेंच केंद्रीय गृह मंत्रालयान जारी केल्ल्या नव्या नेमावळी प्रमाण ह्या सप्तकात आयोजीत करपात येवपी भौशीक कार्यक्रम, शिक्षणीक संस्थां, सरकारी शाळां आनी हेर थळांचेर आयोजीत कार्यक्रमांनी वंदे मातरम् राष्ट्रीयगीताचे सगळें स कडवीं वाजोवप आनी गावप सक्तीचें आसा. तशेंच राज्यां आनी संघप्रदेशांनी आयोजीत करपात येवपी कार्यक्रमांनी राष्ट्रीय पांवड्यावयल्या मुखेल कार्यक्रमांच्या थेट प्रक्षेपणाचो आस्पाव करपाक जाता. अशें कार्यक्रम स्वातंत्र्य सैनिकांची आनी त्याग आनी वंदे मातरम् राष्ट्रीयगीताच्या भावनेन प्रेरीत आसतले. नागरिकांनी ह्या कार्यक्रमांनी सहभागी जावपाक https://www.vandemataram150.in ह्या पोर्टचेर भेट दिवची. कार्यक्रमांनी सहभाग घेवपाक लोकांक तशेंच शाळां, म्हाविद्यालयां आनी विद्यपिठांच्या विद्यार्थांक प्रोत्साहन दिवपा खातीर विविध कार्यक्रम, प्रदर्शनां आनी सर्तींचे आयोजन करपात येतले.

गोयांत राज्यभर आयोजीत कार्यक्रमाच्या समन्वया खातीर कला आनी संस्कृती संचालनालयाची नोडल विभाग म्हणून नियुक्ती केल्या. सप्तकाच्या काळांत राज्यांतल्या रवींद्र भवनात विविध सांस्कृतिक कार्यक्रम, वंदे मातरम सांस्कृतिक प्रदर्शन आयोजीत करतले. तशेंच एक मिनिटाची वंदे मातरम फ्रेम रील तयार करपाच्या सर्तीचो शुभारंभ करतले.

शहीद दिसानिमतान 23 मार्च 2026 दिसा शाळांनी सामूहिक वंदे मातरम् गायनाचे आयोजन करतले. तशेंच पंचायत विभाग, थळाव्यो स्वराज्य संस्थां आनी हेर भौशीक जाग्यांचेर कार्यक्रमांचे आयोजन करतले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/198

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.